कैरळांत फाटल्या वर्सा वायनाड भूयकांपांतल्यान जिवंत उरिल्ल्या लोकां खातीर राज्य सरकाराच्या पुनर्वसन टाउनशिप प्रकल्पाची बुन्याद आयज सांजवेळार घालतले, मुख्यमंत्री पिनाराई विजयन, मॉडेल टाउनशिपाची बुन्याद घालतले, जी कल्पेटाच्या एल्स्टन इस्टेटांत बांदतले. टाउनशिपांत दरेकी सात प्लॉटांचेर 430 घरां आसतलीं, तातूंत सामुदायिक केंद्रां, बाजारपेठ, प्राथमीक भलायकी केंद्रां आनी आंगनवाडी सारकिल्ल्यो आधुनीक सुविधा आसतली. तशेंच सौर उर्जेचोय उपेग करतले आनी दूषित उदकाचेर प्रक्रिया करपाची यंत्रणा आसतली फाटल्या वर्सा जुलयांत वायनाड जिल्हयांतल्या मेपाडी ग्राम पंचायतींतल्या मुंडक्कई, चोरालमाला, आनी अट्टामाला वाठारांनी, जाल्ल्या भूयकांपाक लागून 266 जाणांक मरण आयिल्लें.

वर्साच्या गलवान देगणांतल्या झगड्याक लागून भारत आनी चीन हांचे मदीं इबाडिल्ले संबंद परतून सुधारपाचो यत्न करतात अशें विदेश व्यवहार मंत्री एस जयशंकर हांणी सांगलां. कारण ताण आशिल्ले संबंद दोनूय वटांनी सेवा दिवचे नात. मतभेद वाद जावंक फावना आनी सर्त संघर्श जावंक फावना अशें डॉ जयशंकर हांणी सांगलें. नवी दिल्लीत आशिया सोसायटीचे अध्यक्ष आनी मुखेल कार्यकारी अधिकारी डॉ. क्युंग-व्हा कांग हाँचे वांगडा जालल्या चर्चेत त्यांनी भारत-चीन संबंधांवर उलयताना मंत्री एस जयशंकर हाणी सांगले

फाटल्या वर्सा ऑक्टोबर सावन दोनूय देशां मदल्या संबंदांत कांय प्रमाणांत सुदारणा जाल्या, दोनूय राश्ट्रांनी आपल्या संबंदाच्या वेगवेगळ्या आंगांचेर काम केलां अशें डॉ जयशंकर हांणी भर दिलो. भारत आनी चीन जायत्या प्रस्नांचेर सर्त करतात खरी, पूण सर्त करतात म्हणल्यार दोनूय देशां मदीं संघर्श जावंक जाय असो अर्थ जायना अशें तांणी सांगलें. तशेंच अमेरिकन स्थितीत बदल, चीनाचो उदय, मुळाच्या बदलाचेरूय ताणें नदर मार

भारत, संवसारांतली दुसरी व्हडली 5जी बाजारपेठ जाल्या हाचेर म्हायती तंत्रगिज्ञान मंत्री अश्विनी वैष्णव हांणी आयज भर दिलो. आयज नवी दिल्लींत एका कार्यावळील मार्गदर्शन करतना मंत्रीमंडळान सरकाराचें लक्ष केंद्रीत केल्ल्यान, वेगवेगळ्या क्षेत्रांत मुळावे रुपांतर जावपाक लागलां हाचेर भर दिलो. भारतीय रेल्वे, अंदू 1.6 अब्ज टन इतली दुसरी व्हडली विमान सेवा जावपाक लागल्या आनी बंदरांनीय व्हड गतींत वाड जायत आसा अशे श्री वैष्णव हांणी फुडें स्पश्ट केलें.

धा वर्सा आदीं देशांतलें इलॅक्ट्रॉनीक उत्पादन नगण्य आशिल्लें, पूण आयज तें निर्यातीच्या पयल्या क्रमांकाच्या वस्तूं मदीं जालां असो उल्लेख तांणी केलो. फाटल्या धा वर्सांत देशांतल्या वैजकी म्हाविद्यालयांचो आनी आयआयटींचो आंकडो दुपेटीन वाडला अशें ताणी फुडें सांगलें भारताची यूपीआय फारीकणी पद्दत घेवपाक पुराय दक्षिण तशेंच गिरेस्त देश तयार आसात अशें श्री वैष्णव हांणी सांगलें. अंदू भारतांत पयली 'मेड इन इंडिया' चिप सुरू करपाची येवजण आसा अशेंय मंत्रीमंडळान जाहीर केले

राज्यसभेंत,वित्त विधेयक २०२५आनी विनीयोग क्र.३ विधेयक २०२५ चेर मान्यतायेखातीर आनी परताव्या खातीर भासाभास सुरु केल्या.२०२५-२६ ह्या अर्थीक वर्साखातीर,केंद्र सरकाराच्या अर्थीक प्रस्तावांक लागू करपाचो यत्न करता.केंद्रीय अर्थमंत्र्यानी हें विधेयक मांडलां.

राष्ट्रीय मानवी हक्क आयोगान केरळचे मुखेल सचीव आनी पुलीस म्हासंचालक हांका एका नर्सिंग विध्यार्थ्याच्या आत्महत्त्येच्या प्रकरणांत नोटिस ज्यारी केल्या.कासरगोड जिल्हयांतल्या तिच्या वसतीघराच्या वोरडनान छळ केल्ल्याच्या आरोपा उपरांत आयोगान तें घडणूकेची स्वता जावन दखल घेतल्या.अधिकार्यानी चार सप्तकांभीतर ह्या प्रकरणांचो अहवाल सादर करचो अशे निर्देश आयोगान दील्यात.

Ulhas Naik AIR: आयज पुराय जगभरांत संवसारीक रंगभुमी दीस व्हड उमेदीन आनी तरेकवार कार्यावळीं वरवीं मनयतात.रंगभुमीचे अभ्यासक, सांस्कृतीक देणे-घेणे तशेंच मानवी अभिव्यक्तिंतल्या भुमिकाचो भोवमान करपा हेतान दर वर्सा २७ मार्च हो रंगभुमी दीस म्हण संवसारीक पांवड्यार पाळटात.शांततायेखातीर रंगभुमी आनी संस्कृती असो आशय अंदू वरसाच्या रंगभुमी दिसाचो आसा.संवसारीक रगभुमी दिसाची सुरवात १९६१ वरसा आंतरराष्ट्रीय रंगभुमी संस्थेन केल्ली.

दिल्लींत चालू आशिल्ली खेलो इंडिया पेरा गेम्स आयज सोंपल्यो.सर्तीचे निमणे दिसा खेळगड्यानी पेरा टेबलं टेनिसच्या निमणे खेळांत बरें प्रदर्शन करीत दादल्यांचा गटांत येझडी अस्पी भामगारान भांगरा पदक जोडलें जाल्यार विकास ठाकुरान रुप्या पदक मेळयलें.तशेंच महिला गटांत भाविका कुकडीयान भांगरा पदक जाल्यार जमानी नूरजहां नूर अलीन रुप्या पदक जोडलें.

आय पी एल टी २० क्रिकेट सर्तींत काल राती गुवाहटिंत जाल्ल्या खेळांत कोलकाता नायट रायडर्स पंगडान राजस्थान रोयल्स पंगडाचेर ८ गाडी राखून जैत जोडलें.राजस्थान रोयल्स पंगडान २०षटकांत ९ गडी बाद १५१ धावंड्यो काडल्यो जाल्यार तांकां जाप दितना कोलकाता नायट रायडर्स पंगडान १७.३ षटकांत १५३ धावंड्यो काडून जैताची मोख सादली.आयज हैदराबादेंत हैदराबादेचो सनरायजर्स आनी लखनौवचोसुपर ज्यायंटस पंगडामदी खेळ जातलो.हो खेळ सांजे ७.३० वरांचेर सुरू जातलो.